राजश्री कामत  प्रादेशिक खबरो ०५.०२.२०२६ @ ७.२० पीएम

- विद्यार्थ्यांनी चडात चड वाचन करून आपले गिन्यान आनी समज वाडोवपाक जाय अशे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी म्हणला
- स्मार्ट मीटराची जोडणी 2027 मेरेनपुराय जातली असो अदमासवीज खात्याचे मुखेल अभियेंता स्टीफन फर्नांडीस हांणी व्यक्त केला
- गोंयचे नामनेचे उद्देजक आनी श्री संस्थान गोकर्ण पर्तगाळी जीवोत्तम मठ समितीचे अध्यक्ष श्रीनिवास धेंपो हांकां अंदूंचो प्रतिश्ठेचो विद्याधीराज पुरस्कार जाहीर केला
- भारतीय क्रिकेट नियमक मंडळाची विद्यापीठ पातळीवेली आंतर विभागीय विझी ट्रोफी क्रिकेट सरत १ ते ७ मार्च मजगती गोयात जातली

गणेश

विद्यार्थ्यांनी चडात चड वाचन करून आपले गिन्यान आनी समज वाडोवपाक जाय. व्यक्तीगत, शीक्षणीक आनी सगळे प्रकारच्या उदरगती खातीर वाचन म्हत्वाचे आसा, अशें राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी म्हणला.कांपाल - पणजी हांगा नॅशनल बूक ट्रस्टतर्फे पुस्तक महोत्सव सुरू आसा. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी बुधवारा महोत्सवाचे उक्तावण जालें. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी महोत्सवाक भेट दिवन पुस्तकांची पळोवणी केली. हे वेळार राज्यपालांनी उपस्थित विद्यार्थ्यांकडेन संवाद सादलो. माहिती मेळोवप आनी पावोपाची आयज तरेकवार सादना उपलब्ध आसा. माहितीची तरेकवार सादना उपलब्ध आसली तरी विचार पावोप वा आत्मसात करपा खातीर पुस्तकांचोच आदार घेवचो पडटा. आपले जीवित कुटुंब, समाज तशेच देशा खातीर फलादीक थारचे म्हूण विद्यार्थ्यांनी सेगीत येत्न करचे, अशे आवाहन राज्यपालांनी केले.

सुभाष

गोवा पुस्तक महोत्सवात शालेय विद्यार्थ्या खातीर वेगवेगळे उपक्रम आयोजित केल्यात ताचो लाव सगळ्या शाळांनी घेवंचो असो उलो ह्या महोत्सवाचे विद्यार्थी संयोजक विलास सतरकर हांणी सांगले. विद्यार्थ्यांक वाचनाची गोडी लागची आनी वेगवेगळी पुस्तका तांणी वाचची तशेच पळोवची म्हूण सगळ्या मुख्याध्यापकांनी आपल्या विद्यार्थ्यात हो पुस्तक महोत्सव दाखोवचो अशें सतरकर हांणी मागले.

रश्मी

स्मार्ट मीटरांक लागून वीज वापरांत सुदारणा जातली. लोकांक तांचो दिसपट्टो वापर करपाक मेळटलो. स्मार्ट मीटरिंग ही काळाची गरज आसा, कारण गिरायकांक तांच्या दिसपट्ट्या वीज वापराचे प्रमाण कळटले. हाका लागुन वीज बीलांच्य बाबतीन पारदर्शकता येतली. आपुण कीतली लायट वापरली. आनी ताचेप्रमाण कितले बील आयले हाचो हिशोब आता गोंयच्य वीज गिरायकाक मेळटलो अशे मत वीज खात्याचे मुखेल अभियेंता स्टीफन फर्नाडीस हांणी व्यक्त केला.स्मार्ट मीटराची जोडणी 2027 मेरेनपुराय जातली असो अदमास तानी दिला.संयुक्त वीज नियंत्रण आयोगाची उत्तर गोंयाखातीरची बसका आयज पणजे institute menezes Braganza सभाघरात जाली ह्यावेळार नागरीकांनी वीज पुरवण विंशी प्रस्न तशेच वीज बीलाविंशीचे दुबाव आयोगामुखार मांडले. स्मार्ट मिटर जोडणेक विरोध करपी कांय लोक राजकी फायद्या खातीर तशें करतात. जमनी पोंदा केबल लावप हो एक बरो प्रकल्प आसून ताचो फायदो नागरीकांक जातलो. ह्या यंत्रणेक लागुन दोश सहजपणान वळखुपाक मेळटले, बंच केबलांतले दोश सोदून काडप कठीण आशिल्लें अशे स्टीफन फर्नाडीस हांणी म्हणला.स्टीफन फर्नांडीस हांणी सांगलें की 7.5 लाख स्मार्ट मीटरांचो ऑर्डर एकाच विक्रेत्याक दिला, पयल्या स म्हयन्यात तंत्रगिन्यानाचो अभ्यास, आर.एफ संचारण आनी नियंत्रण केंद्र स्थापन करपा खातीरउपेग जातलो.जाल्यार 1020 फीडरां खातीर फीडर मीटरिंग पुराय जालां, 9 हजार डीटीसी आनी 5800 सरकारी जोडणीं सुरू जाल्या अशें तांणी सांगलें. फुडल्या टप्प्यांत उद्देगीक जोडणींचो आस्पाव जातलो. ताका लागुन स्मार्ट मीटराच्या जोडणेचो आकडो सुमार 15 हजार मेरेन पावतलो.पुराय राज्यात प्रकल्प 2 ते 2.5 वर्सां भितर टप्प्या टप्प्यान हे काम पुराय जातले अशी म्हायती तांणी ह्यावेलार दिली.

रश्मी

गोवा प्रदेश युवा काँग्रेसीचे अध्यक्ष अर्चित नायक हांच्या फुडारपणाखाल युवा कॉंग्रेसीच्या वांगड्यांनी आयज पुलिस म्हासंचालक आलोक कुमार हांची भेट घेवंन गोंयांत जावपी घुवली वकदांच्य वेव्हाराआड खर कारवाय करची अशे मागणी करपी निवेदन भेटयला. गोंयांत ड्रग्साचेर शून्य सहिष्णुताय धोरण चालीक लावचें, शिक्षणीक परिसरांत ड्रग्साचो दुरुपयोगाच्यो घडणुको वाडत आसात ताचेंर कारवाय जावची, बीटस पिलानी मरण प्रकरणाची पुराय चवकशी करपाची मागणी करून न्याय मेळोवचो अशी मागणी तांणी ह्या

निवेदनातल्यान केल्या. घुवळी वखदांचो विळगो गावगिऱ्य वाठारांनी लेगीत पावला असो हुस्को ह्यावेळार युवा कॉंग्रेसीच्य वागंड्यांनी व्यक्त केला.

सुशांत

गोंयचे नामनेचे उद्देजक आनी श्री संस्थान गोकर्ण पर्तगाळी जीवोत्तम मठ समितीचे अध्यक्ष श्रीनिवास धेंपो हांकां अंदूंचो प्रतिश्ठेचो विद्याधीराज पुरस्कार जाहीर केला. तेच प्रमाण हेर पुरस्कार मठान जाहीर केल्यात. जिवोत्तम पुरस्कारा खातीर तीन मानेस्तांक वेंचून काडल्यात तातूंत बेंगळुरूचे अमरनाथ कामथ, मुंबयचे श्रीनिवास भट आनी गोंयचे अनिल पै हांचो आस्पाव आसा. हाचे भायर गोकर्ण हांगांच्या वेदमूर्ती श्रीधर भट हांकां पुरुषोत्तम पुरस्कार जाहीर केला.मठाच्या ५५१व्या स्थापणूक दिसा म्हळयार २० मार्च शुक्रारा मठाधीश श्रीमद् विद्याधीश तीर्थ स्वामीजी हांचें हस्तुकीं हे पुरस्कारांचे वांटप जातलें अशंेे मठ समितीन जाहीर केला.

DIP

उच्च शिक्षण संचालनालयान मानसिक दुयेंस/आत्महत्येच्या प्रकरणांची बातमी दितना माध्यमांनी पीसीआय मार्गदर्शक तत्त्वांक पाळो दिवपाचो सल्लो दिला. मानसिक दुयेंसा संबंदीत बातम्यांचे प्रकाशन/रिपोर्टिंग करपा विशी मानसिक भलायकी सेवा कायदो 2017 च्या कलम 24 (1) प्रमाण मंडळान "माध्यमांनी मानसिक दुयेंस आशिल्ल्या व्यक्तीच्या संमती बगर मानसिक भलायकी संस्थेत उपचार घेवपी व्यक्तीचे छायाचित्र वा हेर कसलीय म्हायती प्रकाशीत करची न्हय" हो नियम स्वीकारला.

मीडिया वेवसायिकां खातीर एक संसाधन – 2017, च्या अहवालाक अनुसरून मंडळान मार्गदर्शक तत्वां स्वीकारल्या. वृत्तपत्रां आनी वृत्तसंस्थांनी आत्महत्या प्रकरणांचे रिपोर्टिंग करतना आत्महत्ये विशीच्यो बातम्यो चड करून प्रकाशीत करच्यो न्हय आनी अशो बातम्यो गरज नासतना परत परत प्रकाशीत करच्यो न्हय, आत्महत्येक खळबळजनक करपी भाशेचो वापर करचो न्हय वा समस्यांचेर उपाय म्हूण ती सादर करची

न्हय. आत्महत्येक वापरिल्ली पद्धत, सुवातेचो तपशील, खळबळजनक माथाळो, छायाचित्रां, व्हिडिओ फुटेज वा सोशल मीडिया लिंक्स वापर टाळचो.

प्रसाद

फार्मागुडीच्या, गोवा विद्या प्रसारक मंडळ संस्थेच्या नव्यान बांदिल्ल्या कॉमर्स हाऊस आनी विद्या प्रसारक ह्या दोन नवीन इमारतींचें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आज उक्तावण केलें. ह्या वेळार वीज मंत्री सुधीन ढवळीकार. बांदोडा पंचायतीचे आदले सरपंच रामचंद्र नायक, गोंय विद्या प्रसारक मंडळाचे सार्वत्रिक सभा अध्यक्ष भास्कर खंडेपरकार, गोंय विद्या प्रसारक मंडळाचे कार्यकारी समितीचे अध्यक्ष कृष्ण शेटये, सचीव दीपक गांवकार आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी विद्यार्थ्यांक आयज कुशळटायेचेर आदारिल्लें प्रशिक्षण दिवचें आनी शिक्षकांनी तांकां तांच्या प्रवृत्ती प्रमाण कुशळटाय आदारीत शिक्षणाचे दिकेन मार्गदर्शन करचें अशें आवाहन केलें. कुशळटायेचेर आदारिल्ल्या शिक्षणांतल्यान विद्यार्थ्यांक नोकरी आनी स्वतंत्र वेवसाय मेळोवपाच्यो जायत्यो संद आसात, तशेंच विद्यार्थ्यांनी गोंयच्या पारंपारीक उद्देगांचेर लक्ष केंद्रीत करप गरजेचें आसा आनी फुडल्या जिवितांत पारंपारीक उद्देगांतल्यान स्वतंत्र वेवसाय उबारपाक उपेगी पडटलो अशें सांगले. गोंयच्या विद्यार्थ्यांनी IAS, GPSC आनी हेर स्पर्धात्मक परिक्षाकडे वेगळया नदरेन पळोवचे आनी ह्यो परिक्षा पास जावपा खातीर अथक यत्न करचे अशें म्हळे. ह्या वेळार उलयतना वीज मंत्री सुदिन ढवलीकार हांणी सांगलें की, गोंय विद्या प्रसारक मंडळ ही गोंयांतली एक पोरनी आनी नामनेची संस्था. फाटलीं जायतीं वर्सां फोंडा वाठारांतल्या आनी गोंयच्या विद्यार्थ्यां खातीर वावुरता. ताचे जायते पूर्ववर्ती विद्यार्थी संवसारभर नामना मेळयतात आनी हे विद्यार्थी वेगवेगळया उद्देगांनी काम करतात अशें तांणी सांगलें. सगळे एकठांय येवन एकठांय काम केल्यार बदल नक्कीच जाता अशे तानी म्हणले . ह्या वेळार उलयतना अध्यक्ष खंडेपारकार हांणी सरकाराच्या अथक आदाराक लागून ही संस्था फुडें वचूंक पावली अशे सांगलें.

DIP

गोंय सरकाराच्या उच्च शिक्षण संचालनालयान गोंय राज्यांतल्या उच्च शिक्षण संस्थांनी प्राध्यापकां खातीर कृत्रिम बुध्दी (एआय) साधनांत क्षमता-बांधणी उपक्रम हातांत घेतला. कृत्रिम बुध्दीचो वापर विशय-विशिश्ट आसता हें मतींत दवरून, डीएचईन 69 विशयांच्या प्राध्यापकांक प्रशिक्षण दिवपाक एक संरचीत आराखडा विकसित केला जांका स विशय-

विशिश्ट गटांनी विभागल्यात. ह्या उपक्रमाची अंमलबजावणी करपा खातीर डीएचईन इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ इन्फॉर्मेशन टेक्नॉलॉजी, डिझाइन अँड मॅन्युफॅक्चरिंग जबलपूर हांचे वांगडा सहकार्य केलां, प्रशिक्षण कार्यक्रम प्रत्येक गटाखातीर एका सप्तकाच्या प्रशिक्षण सत्रांच्या स्वरूपात तयार केला. या संदर्भात, उपयोजित विज्ञान गटापासून सुरुवात करून, अभियांत्रिकी, संगणक विज्ञान, संगणक अनुप्रयोग, इलेक्ट्रॉनिक्स, वास्तुकला, कृषी, शिक्षण, डिझाइन, ललित कला, पाककला आणि आदरातिथ्य यांसारख्या विषयांचो आस्पाव असलेल्या पाच गटांचे प्रशिक्षण नोव्हेंबर २०२५त यशस्वीरित्या आयोजित केले .

DIP

गोंय विद्यापीठान विद्यापीठाच्या कॅम्पसात आनी विद्यापीठाकडेन सलग्न आशिल्ल्या म्हाविद्यालयांनी शिकोवपी पद्व्युत्तर (पीजी) आनी बी.एड. अभ्यासक्रम शालेय वर्स 2026-27 खातीर गोंय विद्यापीठ प्रवेश रॅंकिंग परिक्षा (जीयु-एआरटी) 2026-27 जाहीर केल्या. गोंय विद्यापीठाच्या समर्थ पोर्टला वरवीं 4 ते 18 फेब्रुवारी 2026 मेरेन ऑनलायन अर्ज स्विकारतले.जीयु-एआरटी फेरी-1- 7 मार्च, 8 मार्च, 14 मार्च, 15 मार्च आनी 22 मार्च 2026 दिसा घेतली. जाल्यार शिक्षण शाखा बदलाची परिक्षा 25 आनी 26 फेब्रुवारी 2026 दिसा घेतले. पीजी आनी बी.एड. अभ्यासक्रम प्रवेश जीयु-एआरटी परिक्षेच्या आदाराचेर आसतलो.निमणे वर्साचे अंडरग्रॅज्युएट विद्यार्थींय अर्ज करपाक पात्र आसात आनी पात्रताय पुर्ण करपाच्या अटीचेर तात्पुरतो प्रवेश दितले. इत्सुक 18 फेब्रुवारी 2026 , सांजेच्या 5.00 वरा मेरेन अर्ज करपाक जाय.

स्पोट्‌र्स

भारतीय क्रिकेट नियमक मंडळाची विद्यापीठ पातळीवेली आंतर विभागीय विझी ट्रोफी क्रिकेट सरत १ ते ७ मार्च मजगती गोयात जातली

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 35.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 21.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.